# गोंयांक शिक्षणीक हब करपा खातीर साधन सुविधांच्या विकासाचेर सरकाराचो भर- मुख्यमंत्री

ता. 24 डिसेंबर 2022

गोंयांक शिक्षणीक हब करपाचे उद्दिश्ट पूर्ण करपाच्या दिकेन सरकारान आवश्यक पावलां मारल्यात. शिक्षणीक हब करपाखातीर आवश्यक आशिल्ल्या साधन सुविधांच्या विकासाचेर भर दिल्लो आसा. राज्यांत स्टार्ट-अप आनी इनोव्हेशनाक प्रोत्साहन दिवपाखातीर सरकारान येवजण, सुरू केल्या, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें. मुख्यमंत्री काल शिरोडा हांगा श्री रायेश्वर इन्स्टिट्यूट ऑफ इंजिनीअरिंग अँड इन्फॉर्मेशन टेक्नॉलॉजीच्या आदल्या विद्यार्थी मेळाव्याक मुखेल सोयरे म्हूण उलयताले.

कार्यक्रमाक उदकास्त्रोत मंत्री आनी शिवग्राम एज्युकेशन सोसायटीचे अध्यक्ष श्री सुभाष शिरोडकर उपस्थित आशिल्लें.

फुडें उलयतना मुख्यमंत्र्यांन शिक्षण क्षेत्रात सरकारन सुरू केल्ल्या साबार उपक्रम आनी येवजणांचो उल्लेख करून देशातल्या प्रत्येक नागरिकाक दर्जेदार शिक्षण दिवपाचो प्रधानमंत्री श्री नरेंद्र मोदी हांचो सतत प्रयत्न आशिल्ल्याचे म्हणलें. इतिहासात पयलेच फावट प्रधानमंत्र्यानी देशात कुशळटाय विकास मंत्रालयाची स्थापना करून कुशळटाय विकासाचेर भर दिल्लो आसा. गोंय सरकारान राज्यांत कुशळटाय विकासा खातीर अनेक उपक्रम सुरू केल्यात तशेंच गोंयांत रोखडेच फिनिशिंग स्कूल संकल्पना सुरू करपाची येवजण आसा, अशेंय तांणी सांगलें.

ह्या वेळार मुख्यमंत्र्यान गोंय राज्याच्या विकासाखातीर आनी गोंयची प्रतिमा जगामूखार व्हड करपाखातीर विंगड विंगड क्षेत्रांत काम करपी आदल्या अभियांत्रिकी विद्यार्थ्यांनी गोंयच्या विकासाक आपले योगदान दिवपाचो उलो मारलो.

उदकास्त्रोत मंत्री श्री सुभाष शिरोडकर हांणी आपल्या भाशणात विंगड विंगड क्षेत्रांत आपली कारकिर्द करपी आदल्या अभियांत्रिकी विद्यार्थ्यांचे अभिनंदन करून राज्याच्या विकासाक प्रत्येकान आपले योगदान दिवपाची गरज व्यक्त केली. राज्यातल्या उच्च शिक्षण संस्थांतल्यान चडांत चड विद्यार्थीनी शिक्षण पुर्ण करून आपले आऩी राज्याचे नाव वयर काडचे, अशेंय तांणी म्हणलें.

एमेरिटसचे अध्यक्ष श्री नितीन कुंकळ्येकर हांचेय ह्या वेळार भाशण जालें.

ह्या वेळार मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकीं आपल्य कारकिर्दीत यश मेळयिल्ल्या आदल्या विद्यार्थ्यांक पुरस्कार भेटयले.

आदल्या विद्यार्थी संघटनेचे अध्यक्ष अश्विन कुंकळ्येकर, संस्थेचे संचालक सचिन शिरोडकर, डॉ गौरी शिरोडकर आनी हेर मानेस्त कार्यक्रमाक उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/812

--

Issued by
Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji